## मिनेझीस ब्रागांझा संस्थे वतीन बहुभाशीक महिला साहित्यीक मेळाव्याचें आयोजन

ता. 15 एप्रिल 2026

मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेन 18 एप्रिल 2026 दिसा प्रियाल फार्म हाऊस, खांडेपार फोंडे हांगा बहुभाशीक महिला साहित्यीक मेळाव्याचें आयोजन केला. राज्यांत साहित्य आनी कला-संस्कृतीक प्रोत्साहन दिवपा खातीर संस्थेवतीन दर वर्सा कार्यशाळां, परिसंवाद, सर्ती सारखे कार्यक्रम आयोजीत करपात येता.

बहुभाशीक महिला साहित्यीक मेळाव्याचें उक्तावण 18 एप्रिल 2026 दिसा सकाळी 9.30 वराचेर समाज सेविका श्रीमती सुलक्ष्णा सावंत हांचे हस्तुकीं हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत जातले. साहित्याच्या मळार योगदान दिल्ल्यो महिला ह्या मेळाव्यात वाटो घेतल्यो. मेळाव्यात कविता लेखन, साहित्य लेखनाचेर चर्चा आनी मर्गदर्शन सत्रां जातली.

समारोपाची कार्यावळ सांजेच्या 4.30 वराचेर जातली. गोंयच्या महिला लेखकांनी ह्या बहुभाशीक महिला साहित्यीक मेळाव्यात सहभागी जावचे, अशी विनंती संस्थेन केल्या.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/253

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.